गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 06 वर्स 2026**

12. 06. 2026 दिसा प्रकाशीत जाल्या

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 26.06.2026 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

टीप:1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.

## I .भौशीक भलायकी खातें

A. मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था (Institute of Psychiatry and Human Behavior)

1 सहाय्यक वखदां रसायनशास्त्रज्ञ (Assistant Pharmaceutical Chemist) ......... 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी**: वेतन मॅट्रिक्स टप्पो -6 प्रमाणें **पिराय** - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची बी.फार्म. पदवी वा तत्सम. ii) वखदां निर्मिती/घुंवळी वखदां आनी फार्मसी सेवाचेर पर्यवेक्षणाचे काम केल्ल्या प्रतिश्ठीत वखदां निर्माण कम्पनींत, सरकारी उपक्रमांत वा 500 परस चड खाटी आशिल्ल्या हॉस्पिटलांत 3 वर्सांचो अणभव.

**टीप 1**: उमेदवार उच्च गुणवत्ता प्राप्त आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाच्या स्वेच्छाधिकारान पात्रताय सदळ करूंक शकता.

**टीप 2**: अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातींचे उमेदवारांचे बाबतींत जरी नेमणुकेच्या खंयच्याय स्तराचेर, आरक्षीत आशिल्लीं पदां भरूंक जाय आशिल्लो अणभव आशिल्ले उमेदवार ह्या समाजांतल्यान मेळचे नात अशें मत गोंय लोक सेवा आयोगाचें आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाच्या स्वेच्छाधिकारान अणभवा संदर्भांतली पात्रताय सदळ करूंक शकता.

(iii)कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची एम फार्म पदवी वा तत्सम. (ii) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

2. मानसोपचार नर्सिंगांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Psychiatric Nursing ……… 1 पद (हेर मागास वर्गींयां खातीर आरक्षीत)

**वेतन श्रेणी**: वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय** - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय नर्सींग मंडळान मान्यताय दिल्ल्या मानसोपचार नर्सिंगांत पदव्युत्तर पदवी. (ii) पदव्युत्तर पदवी उपरांत पांच वर्सां शिकोवपाचो अणभव.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक**: - (i) नर्सिंगांत डॉक्टर ऑफ फिलॉसॉफी ii) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

**3. मानसोपचार समाज सेवेंत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Psychiatric Social Work) ……… 2 पदां (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी**: वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय** - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक**: (i) मानसोपचार समाज सेवेंत तत्वगिन्यानांत पदव्युत्तर. (ii) मानसोपचार समाज सेवेंत वा शिक्षणीक संस्थेंत मानसोपचार समाज सेवेंत वावुरपी म्हूण पांच वर्सां शिकोवपाचो अणभव आसूंक जाय. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक**: - (i) मानसोपचार समाज सेवेंत डॉक्टर ऑफ फिलॉसॉफी ii) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

## बी. गोंय दांत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल

**व्याख्याते : (Lecturer in)**

**A. ओरल पॅथोलॉजी आनी मायक्रोबायलॉजी (Oral pathology and microbiology) ....... 1 पद (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी**: वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय**- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक**- (i) दांत चिकित्सा कायदो 1948 चे (1948 चो 16 ) वळेरींतल्या भाग I आनी भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) डॅण्टिस्ट्रींत पदव्युत्तर पदवीची पात्रताय म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत दांत शल्यचिकित्सेंत मास्टर. (iii)दांत मंडळा कडेन नोंदणीकृत आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक**:– (i)पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंतएक वर्स शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दांत महाविद्यालय / वैजकी महाविद्यालय जंय दांत विभाग / दांत संस्था आसा, हातूंत निबंधक /ट्युटर /वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण डॅण्टिस्ट्रीच्या संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iii) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

## सी. भलायकी सेवा संचालनालय

**1. होमियोपॅथीक रोगचिकित्सक (Homeopathic Physician) .....15 पदां (8- अनारक्षीत, 4 - हेर मागास वर्गीयां खातीर, 2- अनुसुचीत जमाती, 1- पद (अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्या खातीर आरक्षीत (ईडब्ल्यूएँस) 15 पदांतलें 1 पद दिव्यांगत्व आशिल्ले व्यक्ती खातीर आरक्षीत (सेरेब्रल पाल्सी, कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो (लॅप्रोसी क्युअर्ड), गिड्डो (ड्वार्फीजम), ऍसीड हल्लो पिडीत आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व)**

टीप : जरी शारिरीक दिव्यांगत्व श्रेणींतले उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, सामान्य वर्गांतल्या श्रेणींतल्यान तितलींच पदां रिक्त दवरतले.

**वेतनश्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** (i) होमियोपॅथी केंद्रीय मंडळ अधिनेम, 1973 (1973 चो केंद्रीय अधिनेम 59) त आसपावीत आशिल्ली पदवी चार वर्सां काळा परस उणी आसची न्हय. (ii) होमियोपॅथीच्या राज्य नोंदणी वा केंद्रीय नोंदणींत भरती केल्ली आसूंक जाय. (iii) मान्यताय प्राप्त हॉस्पिटलांत वा होमियोपॅथी वखदां दिवपी दवाखान्यांत, होमियोपॅथींत तीन वर्सांचो वेवसायीक अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** - (i) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

2. सहयोगी प्राध्यापक: (Associate Professor in:)

a. बाल रोगविज्ञान नर्सिंग/ बाल भलायकी नर्सिंग (Paediatrics Nursing/ Child Health Nursing) …… 1 पद (अनारक्षीत)

b. मिडवायफरी आनी ओबस्टेट्रीकल नर्सिंग (Midwifery and Obstetrical Nursing) …… 1 पद (अनारक्षीत)

c. मानसोपचार नर्सिंग/ मानसीक भलायकी नर्सिंग (Psychiatric Nursing/Mental health Nursing) …… 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) संबंदीत विशेशतायेंत नर्सिंगांत पदव्युत्तर पदवी म्हणल्यार मॅडिकल सर्जिकल नर्सिंग/बालरोग/प्रसूती/सामुदायीक भलायकी नर्सिंग/ मानसोपचारांत उण्यांत उणें 55% गूण वा तत्सम (उमेदवारा कडेन एम.फिलांत पदवी आसली तरीय वयली पात्रताय शिथील आसची ना).

(ii) नर्सिंगांत पदव्युत्तर पदवी मेळयल्या उपरांत मान्यताय प्राप्त नर्सिंग कॉलेजींत उण्यांत उणो 10 वर्सांचो शिकोवपाचो अणभव, तातूंत अपेस आयल्यार मान्यताय प्राप्त स्कूल आनी कॉलेज ऑफ नर्सिंग महाविद्यालयांत उण्यांत उणो 5 वर्सांचो शिकोवपाचो अणभव.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** - (i) एम. फिल वा नर्सिंग, वर्तनी शास्त्र वा शिक्षणांत पदव्युत्तर पांवड्या भायर मान्यताय मेळिल्ली पदवी वा उमेदवाराची स्वतंत्र संशोधन कार्य करपाची क्षमताय दाखोवपी कार्य उजवाडायिल्लें आसूंक जाय

(ii) महाविद्यालयांतल्या कार्यावळींत वा मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांत क्लिनीकल शिकोवपांत दोन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

(iii) मान्यताय प्राप्त नर्सिंग मंडळांत नोंदणी केल्ली आसूंक जाय वा अशे नोंदणी खातीर पात्र आसूंक जाय.

(iv) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

3. वरिश्ठ मानसोपचार तज्ञ ( Senior Psychiatrist) …… 1 पद (हेर मागास वर्गींयां खातीर आरक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

**आवश्यक:** (i)भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसरे वळेरीच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी आसूंक जाय. (iii) पदव्युत्तर पदवी मेळ्ळया उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 3 वर्सां कामाचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक: - (i) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

<u>II. तंत्रीक शिक्षण संचालनालय</u>

सरकारी तंत्रनिकेतन ( Government Polytechnic)

1. व्याख्याते-

i) अप्लायड मॅकानिक Applied Mechanics (यांत्रिकी अभियांत्रिकी) .... 1 पद (हेर मागास वर्गींयां खातीर आरक्षीत)

ii) अप्लायड मॅकानिक Applied Mechanics (नागरी अभियांत्रिकी ) ..1 पद (अनारक्षीत)

iii) अन्न तंत्रगिन्यान ( Food Technology) …. 2 पदां ( 1 अनारक्षीत, 1 हेर मागास वर्गींयां खातीर आरक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 9A प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:

**आवश्यक** – (i) अभियांत्रिकी /तंत्रगिन्यानाच्या संबंदीत फांट्यांत पयलें श्रेणींत पदव्युत्तर पदवी वा अभियांत्रिकी /तंत्रगिन्यानाच्या संबंदीत फांट्यांत पयले श्रेणींत पदवीधर पदवी.

टीप: वयर दिल्ल्या उद्देशा खातीर "योग्य फांटो" म्हणल्यार ज्या फाट्यांत पद भरपाचें आसा तो फांटो वा जंय आसपावीत आशिल्ल्या विशयाची समानता दाखोवं येता अशे हेर फांटे.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

III. भूगर्भशास्त्र आनी खाण संचालनालय

1. सहाय्यक खाण अभियंतो (Assistant Mining Engineer) ...... 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो - 7 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:

**आवश्यक** – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांत खाण अभियांत्रिकेंतली पदवी.

(ii) मान्यताय प्राप्त द्वितीय श्रेणींतल्या वेवस्थापक क्षमतायेचें प्रमाणपत्र.

(iii) खाण क्षेत्रांत उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** - (i) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

2. भूगर्भशास्त्री (Geologist) ....... 2 पदां (1- अनारक्षीत, 1 अनुसुचीत जमाती)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो - 7 प्रमाणें पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:

**आवश्यक** – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची भूगर्भशास्त्र वा संबंदीत भूगर्भशास्त्रांत पदव्युत्तर पदवी.

(ii) खाण क्षेत्रांत संशोधन कार्यां, भूगर्भशास्त्र नकाशे तयार करप आनी खाणी संबंदीत साठ्यांची गणना ह्या संदर्भांत तीन वर्सांचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** - (i) मराठीचें गिन्यान.

3. विधी अधिकारी (Legal Officer) ...... 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो - 7 प्रमाणें पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:

**आवश्यक** –(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची कायद्याची पदवी. (ii) न्यायालयाच्या प्रकरणांत उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव वा वकील म्हूण वेवसाय केल्लो तीन वर्सांचो अणभव.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** - (i) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

## IV. उच्च शिक्षण संचालनालय

सरकारी महाविद्यालय

1. सहाय्यक प्राध्यापक : (Assistant Professor in)

   i) भुगोल (Geography) .... 1 (पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत ( सेरेब्रल पाल्सी, कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो, गिड्डो, एसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व )

   ii) वाणिज्य (Commerce) ...... 1 पद (अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्या खातीर आरक्षीत )(ईडब्ल्यूएॅस)

   iii) अर्थशास्त्र (**Economics**) ......1 पद (दिव्यांगत्व आशिल्ले व्यक्ती खातीर आरक्षीत) (अंधत्व आनी उणी दृश्टी) (Blindness and low vision)

**वेतन श्रेणी:** (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:--

**आवश्यक :** (I) भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार उण्यांत उणे 55% गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद, वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी) / राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तीची आसतली: पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी प्राप्त जाल्या वा मेळ्ळया, जी "विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पद्धत), नियमन 2009 चें पालन करून दिल्या, तांकां महाविद्यालयांत प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदा खातीर भरती वा नेमणूक करतना एनईटी/एसईटी चे किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली." (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छीक:** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.

*** दिव्यांग व्यक्ती ह्या वर्गां खातीर पदवीधर आनी मास्टर स्तराचेर पात्रतायेच्या निकशांत आनी शिक्षणीक पदांचेर थेट भरती करतना बरे शिक्षणीक नोंदीचें मुल्यांकन करूंक 5 टक्के सूट दिवं येता.**

2. सरकारी महाविद्यालयांत प्राचार्य (Principal in Government College) ..........

1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणीः** रू.37400-67000+ AGP+ रू.10000/-+ विशेश भत्तो रू.4500/- ( वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 14 प्रमाणें)

**पिराय -** 55 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

टीप: महाविद्यालयाच्या प्राचार्याचे नेमणुकेची मुजत पांच वर्सांची आसतली आनी अशेच निवड समिती प्रक्रिये उपरांतूच आनीक एका कार्यकाळा खातीर परत नेमणूक करूंक पात्रताय आसतली.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यकः** (i) संबंदीत विशयांत मास्टर पदवी आसूंक जाय. (ii) विद्यापिठां, महाविद्यालयांत आनी उच्च शिक्षण संस्थांनी शिकोवप/संशोधनांत प्राध्यापक / सहयोगी प्राध्यापक म्हूण एकूण पंदरा वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iii) गोंय विद्यापिठान वेळवार मान्यताय दिल्ल्या प्रमाणें समकक्षांनी नियाळ केल्ल्या जोर्नलांनी उण्यांत उणीं 10 संशोधन प्रकाशनां वा यूजीसी-सुचीबद्ध जोर्नलांनी उण्यांत उणीं दोन शप्स (schpus)/ वॅब विज्ञान जोर्नलांत आसूंक जाय. (iv) 2018 त महाविद्यालयांनी शिक्षक आनी हेर शिक्षणीक कर्मचाऱ्यांची नेमणूक करपा खातीर उण्यांत उणी पात्रताय आनी उच्च शिक्षणांतलें मानक सांबाळपा खातीर हेर उपायांचेर अधिनेम एससी-16 खातीरचें परिशिश्ट II, तकटो 2 त थारायल्ले प्रमाणें उण्यांत उणे 110 संशोधन गूण आसूंक जाय. (v) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:-**मराठीचें गिन्यान आसल्यार बरें.